**अंत्योदय अन्न येवजण, प्राधान्यक्रम कुटुंबांक रेशनाचेर एक कील चणे**

ता. 23 डिसेंबर 2020

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यावतीन प्रधानमंत्री ग्राम कल्याण अन्न येवजणेखाला अंत्योदय अन्न येवजण आनी प्राधान्यक्रम कुटुंब येवजण रेशन कार्डधारकांक डिसेंबर म्हयन्याच्या कोट्यातल्यान एका रेशनकार्डाचेर 1 कील चणे दितले. तशेंच ज्या रेशन कार्डधारकांनी ऑक्टोबर वा नोव्हेंबर म्हयन्याचो कोटा व्हरूक ना तांकाय फाटलो कोटा मेळटलो.

सवाय धान्य दुकानदारांनी तत्काळ आपलो कोटा व्हरून कार्डधारकांक वितरीत करचो. रेशन कार्डधारकांनी आपल्या वाट्याचो कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान ता. 21 जानेवारी 2021 मेरेन व्हरपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/662/760

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa